# राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूक गोंयांत येवकार

ता. 7 नोव्हेंबर 2024

भारताच्यो राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांचे आयज सकाळी गोंयांत आगमन जाले. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, शिश्टाचार मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो आनी हेर मानेस्तांनी तांकां आयएनएस हंसा नौदळ तळाचेर उर्बेभरीत येवकार दिलो. तशेंच नौदळाच्या येवकार पंगडान राष्ट्रपतीक मानवंदना दिली.

लोकसभा खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडिस, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

उपरांत राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू कारवार हांगाच्या भारतीय नौदळाच्या आयएनएस विक्रांत बोटीचेर भेट दिवपाक गेली. आयएनएस विक्रांत ही भारतीय नौदळाची एक म्हत्वाची विमानवाहू बोट आसून राष्ट्रपती बोटीवयल्या कार्याची म्हायती जाणून घेतल्यो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/618

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.